## विशेश मतदार वळेरीं उजळणी विशीं राजकीय पक्षांवांगडा बसका जाली

ता. 13 जानेवारी 2026

विशेश मतदार वळेरीं उजळणी मोहिमेच्या प्रक्रियेचो भाग म्हूण काल सगळें मतदार नोंदणी अधिकारी आनी राजकीय पक्षांच्या प्रतिनिधींची सप्तकी बसका जाली. मतदार वळेरीं उजळणी प्रक्रिया पारदर्शक जावपा खातीर आनी ह्या प्रक्रियेंत राजकीय पक्षांच्या प्रतिनिधींचो सक्रिय सहभाग वाडोवपा खातीर दावें आनी आक्षेपांची सप्तकी यादी अधिकृत राजकीय पक्षांच्या प्रतिनिधींक दिवपाचो आदेश मतदार नोंदणी अधिकाऱ्यांक दिलो.

बसकेत राजकीय पक्षांच्या प्रतिनिधींक सप्तकाच्या काळांत आयिल्लें दावें आनी आक्षेपांची म्हायती दिली. दावें आनी आक्षेपांची सप्तकी यादी, पोंच, फोटोग्राफ आनी हेर संबंदीत दस्तावेज विधानसभा मतदारसंघ प्रमाण दक्षीण गोंय जिल्हाधिकाऱ्याच्या वेबसायटीचेर अपलोड केल्ले आसा. विशेश मतदार वळेरीं उजळणी प्रक्रिया भारतीय वेंचणूक आयोगाच्या निर्देशा प्रमाण पारदर्शक, आसपावीत, अचूक पद्दतीन आनी मुक्त, न्याय आनी सहभागाच्या प्रक्रियेतल्यान पुर्ण करपा खातीर वेंचणूक यंत्रणां कटीबद्द आसा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/43

--
--------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.